   (b) Information received at the PS: 03/2005 9:00:00 AM; Written/Oral:
   (c) Reasons for delay in reporting to the Complainant/Informant:
   (d) General Diary reference: Entry No & Time: 09.30 AM
4. (a) Place of Occurrence With full address: N/A & BANGALORE CITY 560076
   (b) Distance from PS: 1.5 KM TO SOUTH WEST
   (c) If the place belongs to another jurisdiction, Name of the PS: ; District:
5. (a) Name: SRI. ; Father's/Husband's Name: ; Occupation:




FORM – IF1 - (Integrated Form)

FIRST INFORMATION REPORT

(Under Section 154 Cr.P.C)

1. Dist. ..... P.S. ..... Year ..... F.I.R. No. ..... Date .....
2. (i) *Act ..... *Sections .....
   (ii) *Act ..... *Sections .....
   (iii) *Act ..... *Sections .....
   (iv) * Other Acts & Sections .....
3. (a) * Occurrence of Offence: * Day .....*Date ..... *Time .....
   (b) Information received at P.S. Date ..... Time .....
   (c) General Diary Reference: Entry No(s) ..... Time .....
4. Type of information : *Written / Oral
5. Place of occurrence: (a) Direction and Distance from P.S. ..... Beat No. .....
   (b) * Address .....
   (c) In case outside limit of this Police Station, then the name of P.S. ..... District .....
6. Complainant / information :
   (a) Name .....
   (b) Father's / Husband's Name .....
   (c) Date / Year of Birth ..... (d) Nationality .....
   (e) Passport No: ..... Date of Issue: ..... Place of Issue .....
   (f) Occupation: .....
   (g) Address: .....
7. Details of known / suspected / unknown / accused with full particulars (Attach separate sheet if necessary): .....
8. Reasons for delay in reporting by the complainant / Informant .....
9. Particulars of properties stolen / involved (Attach separate sheet if necessary): .....



RISHAV TRIVEDI
1403 Sumukh heights
Oshiwara.
8800845819

To.
The Senior inspector of Oshiwara
Police station mumbai.

Sub- Money has been withdrawn from my account.

Sir.
This is to inform you, that today morning 20-12-2017 at 06:45am. 2 transaction happened through my ICICI savings account (113501508326) from some ATM (SACWF735) at Andheri link road, where 20000rs & 16,500rs has been withdrawn. however ATM card was with me in my house and I was still sleeping that time. The moment I saw the message I informed the bank and enquired about the transaction & get the card and account blocked. Can you please get this investigate further and get the CCTV footage of the ATM.

Thanks & Regards
RISHAV TRIVEDI
Rishu

20/12/17

प्रस्न 1. क्या आपने कभी एफ़.आई.आर. दर्ज करवाई है?

प्रस्न 2. तुमच्या घरा कडल्यान सगळ्यांत लागीं खंयचें पुलीस स्टेशन आसा?

प्रस्न 3. गरज लागता तेन्ना तुमी खंयच्या फोन नंबराचेर पुलिशेची मजत घेवपाक शकतात?

प्रस्न 4. बायलांचे सुरक्षे खातीर खंयच्या नंबराचेर संपर्क करतात?

शिक्षकांक सुचोवणी- 'कायद्याची म्हायती' विशयाचेर भासाभास करात. वांटो घेतिल्ल्यांक विचारून ह्या विशया कडेन संबंदीत 3-4 उतरां बरयात. हीं उतरां तांचे भाशेंतूय आसपाक शकतात, देखीक- 'कोर्टाचे डावपेच' खातीर 'कोर्टाचें झगडें' बीं.

म्हजीं उतरां


शिक्षकांक सुचोवणी- 'कायद्याची म्हायती' विशयाचेर भासाभास करात. वांटो घेतिल्ल्यांक विचारून ह्या विशया कडेन संबंदीत 3-4 उतरां बरयात. हीं उतरां तांचे भाशेंतूय आसपाक शकतात, देखीक- 'कोर्टाचे डावपेच' खातीर 'कोर्टाचें झगडें' बीं.

▪ चित्र पळोवन रिते सुवातेंत स्वताची काणी घडयात आनी बरयात-



शीलाचें एक ल्हानशें घर आसा. ती शिंवण करता. हाचेरूच तिचो घरसंवसार चलता. घरकार ना, तीन वर्सां आदीं तो भायर पडिल्लो. सीलाक दोन भुरगीं आसात. तीं शाळेंत शिकतात. शीलाच्या घरा कुशीक मनोजाचो कारखानो आसा. घर आपल्याक वीक अशें मनोज शीलाचेर चेपण घालता. खरें म्हणल्यार मनोज थंय आपलो नवो कारखानो उबारपाक सोदता.






फुकट आदार केंद्र

■ समजून घेयात वजना विशीं

1 किलो	=	**1000 ग्राम**
अर्दो किलो	=	**500 ग्राम**
पाव किलो	=	**250 ग्राम**

1. तुमचें वजन कितलें आसा? तोलात आनी बरयात. _____
2. तुमच्या इश्टाचें वजन कितलें आसा? _____
3. वजन करून परयाक आनी सांगात कोणाचें वजन चड आसा – तुमचें काय तुमच्या इश्टाचें? _____







- एका कोबीचें वजन कितलें आसतलें?
- माधवीन पसऱ्याचेर 1 किलो साकर घेतली पूण ताच्या वजना वयल्यान तिका दिसलें हिचें वजन 1 किलो ना. तिणें दुसऱ्या पसऱ्याचेर वचून ती जोखली जाल्यार 900 ग्रामूच जाली. पसरकारान माधवीक कितली साकर उणी दिली?
- उणी साकर वा उणें वजन जोखपाची कागाळ तुमी खंय करतले?


शिक्षकांक सुचोवणी- पयलीं वजनां विशीं म्हायती दियात तशेंच वांटो घेतिल्ल्यांक वजनाचे विभाग, देखीक- किलो, ग्रामाचो अणभव दिवन तांचें गिन्यान वाडोवपाक मजत करात. जड वस्तू जोखपाक किलोचो वापर जाता, हलकी वस्तू जोखपाक ग्रामाचो वापर जाता. किलो वा किलोग्राम बरोवपा खातीर कि.ग्रा. तशेंच ग्राम बरोवपा खातीर ग्रा. अशेंय बरोवपाक शकतात.

- 5 किलो गंव ₹ 100 त आयले जाल्यार 25 किलो गंवाचें मोल कितलें जातलें?
- 25 किलो गंव खरेदी करचे खातीर कसल्यो कसल्यो आनी कितल्यांच्यो नोटी दिवच्यो पडटल्यो? बरयात _____



■ वजन जोखपाचें वजें

अशे तरेन जड वस्तू मेजपा खातीर व्हड वजनां वा वजीं आसतात.



■ राजेश्री भाजी हाडपाक बाजारांत गेलें. हिशेब करात, ताणें वट्ट कितल्या रुपयांची भाजी घेतली?

क्रम	भाजयेचें नांव	क्रम दर (मोल) किलोक	कितली घेतली (प्रमाण)	रुपया दिले
1	बटाट	20	2 किलो	
2	कांदे	15	1 किलो	
3	टमाट	25	3 किलो	
4	कोबी	10	अर्दो किलो	
			वट्ट रुपया	

शिक्षकांक सुचोवणी- खंयच्याय पसऱ्याचेर जेन्ना सामान खरेदी करतात तेन्ना ताचें बील मुजरत घेवचें हे विशीं वांटो घेतिल्ल्यांक जागृत करात तशेंच हाच्या उपेगाचेर भासाभास करात. जर तुमकां दिसता, घेतिल्ल्या सामानाचें वजन आसपाक जाय ताचे परस उणें आसा जाल्यार पसरकाराक तें सामान परतून तागडेंत घालून जोखपाक सांगपाक शकतात. जर तुमकां दिसता, तागडेंत घालतात तीं वजना योग्य जडायेचीं नात जाल्यार तुमी वजन-माप विभागांत कागाळ करपाक शकतात.

■ वाचात आनी समजून घेयात



आवयन एके व्हड भाकरेचे दोन समान कुडके केले. तातूंतल्या एका अर्दाचे दोन समान कुडके करून दोनूय भुरगीं रजत आनी रानीक दिले. चित्र पळोवन सांगात कोणाक कितलो मेळ्ळो?

	म्हणटात	वाचतात	बरयतात
	1 पुराय	पुराय	1
	अर्दो	दोन समान कुडक्यांतलो एक वांटो	$\frac{1}{2}$
	पाव	चार समान कुडक्यांतलो एक वांटो	$\frac{1}{4}$

- भाकरेचो कितलो वांटो उरलो?
- रजतान भाकरेचो कितलो वांटो खाल्लो?
- रानीन भाकरेचो कितलो वांटो खाल्लो?



■ जर आवय भाकरेचे तीन समान कुडके केल्ले जाल्यार वांटणी अशी जावपाची-


भुरग्यांक आदले परस चड वांटो मेळटलो?


1 पुराय = 1 दोन तृतियांश = $\frac{2}{3}$ एक तृतियांश = $\frac{1}{3}$

शिक्षकांक सुचोवणी- वांटो घेतिल्ल्यां कडेन अश्याच दिसपट्टे जिणेंत येवपी गजालींच्यो देखी दिवन भासाभास करात. वजन जोखपा खातीर आतां डिजिटल मशिनांचो वापर करतात. डिजिटल मशिनाचेर वजन जोखचे आदीं मशीन शुन्याचेर सेट केल्ली आसा काय ना हें पळयात. अशीं मशिनां तुमच्या लागसाराक वापरतात जाल्यार ताचेर चर्चा करात.

■ सकयल दिल्ल्या तकट्यांत कड्डणांची वांटणी केल्या. कांय सुवातां चेर बरयिल्लें पुसून गेलां. तकटो भरपाक मजत करात-

पीक	वट्ट उत्पादन (सांकांनी)	वट्ट उत्पादनाच्या अर्दे (सांकांनी)	वट्ट उत्पन्नाचो पाव (सांकानी)
मटर	24		
चणें	32		
गंव	40	20	
			5
	22		साडे पांच वा 5 आनी अर्दो

■ सुंदरा कडेन 2 एकर जमीन आसा. सुंदराक दोन भुरगीं सुशील आनी शीला आसात. दोनूय भुरग्यां मदीं जमनीची समान वांटणी जाली. खाला दिल्ल्या चित्रांत पळोवया, फुडले पिळगेंत जमनीची वांटणी कशी जाली-



40 क 2 समान भागांनी वांटलें

40 ÷ 2 = ____

- 20 क 5 समान भागांनी वांटले

20 ÷ 4 = ____

- 20 को 5 बराबर भागों में बाँटा

20 ÷ ____ = 5

शिक्षकांक सुचोवणी- जमीन वा हेर कसलेय वस्तूची समान वांटणी करतना भागाकाराचेर भासाभास करात.

वर्णमाला

अ आ इ ई उ ऊ ऋ ए ऐ ओ औ अं अः

क ख ग घ ङ

च छ ज झ य

ट ठ ड ढ ण


त थ द ध न

प फ ब भ म

य र ल व

श ष स ह

ळ क्ष ज्ञ



संवादाखातीर

सामान्य भाशेंत आपत्ती म्हणल्यार व्हडले संकश्ट. अशी संकश्टा जी अचानक येतात. दिल्ल्या चित्रांत कसली संकश्टा वा आपत्ती दाखयल्यांत? तुमी केन्ना असल्या संकश्टांक तोंड दिला?



८ संकश्टां कसली – कसली


आमी शिकतली

- धारकताचें मापन करप (मिलीलीटर, लीटर)
- गुणाकार आनी विभागणी हांचो आस्पाव आशिल्ले दिसपट्टे जिणेंचे प्रस्न सोडोवप


पळयात आनी शिकात




अग्नी /आग
उजो
आग



पूर
हुंवार
बाढ़



भूकंप
भुंयकाप
भूकंप



रेल्वे अपघात
रेल दुर्घटना



रुग्णवाहिका
ऐम्बुलेंस



अग्निशामक दल
उजो पालोवपी दळ
दमकल



धावपळ
धांवपळ
भगदड




राहत शिबीर
विश्रांती शिबीर
राहत शिबीर


शिक्षकाक सुचोवण्यो – चित्रां सकयल बरयल्लीं उतरां बोट दवरून शिकयात. भाग घेवप्यांक चित्रां सकयल दिल्ली उतरां वाचपाक सांगात. वेगवेगळ्या संकश्टां विशीं सहभागी लोकां कडेन चर्चा करात. तांचें अणभव जाणून घेयात.

■ **एकठांय मेळून वाचात**

जेन्ना धर्तरी थरथरली


म्हजें नांव जस्मा. हांव गुजरातांतल्या कच्छ वाठारांत रावतां. हांव अकरा वर्सांचे आशिल्लें तेन्नाची खबर. अचकीत जमीन नेटान हालपाक लागली. सगळे लोक भियेले. काय वेळान आमचो पुराय गांव मातयेभरवण जालो. आमचे कपडे, आयदनां, जेवण – सगळेंच जमनी पोंदा पुरून गेलें.






तशेंच जायत्या जाण जखमी जाले. दोतोरांच्या पंगडान गांवच्या लोकांक मजत केली. तांच्या आदारान लोक बरे जावपाक लागले. थंडेचो म्हयनो आशिल्लो. हे थंडेंत घरा भायर रावप कठीण जावपाक लागलें. थंडी आनी भंयाक लागून न्हीद येनाशिल्ली. परतून भूंयकांप जालो जाल्यार? असो भंय आसतालो.


जायत्या जाणांनी आमकां आदार केलो. आमकां रावपाक तंबू लायले. खुबश्या लोकांनी खाणां-जेवणांचे सामानूय दिल्लें.



शारांतल्यान कांय अभियंते आयले. आमचीं घरां खासा डिझायनान तयार केल्यार भुंयकांपाक लागून जावपी लुकसाण उणें जातलें अशें तांच्यानी सांगलें.



आमी सगळ्यांनी खूब कश्ट केले. आमी परत आमचें घर बांदले. घराक कंवचेच्या कुडक्यांनी सजयलें. आतां आमचें घर रातचें हिऱ्यावरी चकचकता.



(स्रोत – आस – पास, इयत्ता – पाचवी , एन. सी. ई. आर. टी.)

शिक्षकाक – सुचोवणी – हो पाठ शिकयतना भाग घेवप्यांक भूज भूंयकांपा विशीं सांगचें. भूंयकांपाक लागून जाल्ल्या परिणामाचेर चर्चा करचीं. सहभागी लोकांक विचारचें तांच्यानी केन्ना भूंयकापांक तोंड दिला? कसल्यो कसल्यो अडचणी आयिल्ल्यो? जीव आनी सामानांचें कितलें लुकसाण जाल्लें? आदी.

चिंतात आनी सांगात

प्रस्न १. संकश्टाच्या वेळार लोकांची घरां नाशिल्ली तेन्ना लोकांक कसले तरेची मदत/आरामाची गरज पडली आसतली?

प्रस्न २ .विचार करात, जर तुमच्या थंय भूंयकांप जालो जाल्यार तुमच्या घराक धोको निर्माण जातलो? जर हय, जाल्यार तुमी खंय रावतलें?

प्रस्न ३. भूंयकांपाच्या वेळार तुमच्या पाळीव जनावरांची राखण आनी जतनाय घेवपाक तुमी कितें करतले?

प्रस्न ४. तुमच्या जिवितांत तुमकां दुकळ, भूंयकांप, हुंवार सारकिल्ल्या सैमीक संकश्टाक तोंड दिवचें पडलां? जर हय, जाल्यार तुमचे अणभव सांगात.

प्रस्न ५. हातूंतल्या कांय संकश्टांक मनीस जापसालदार आसा अशें तुमकां दिसता? अशा खंयच्याय एका संकश्टा विशीं तुमच्या इश्टां कडेन चर्चा करात. संवादांत आयिल्ले मुखेल मुद्दे बरयात.

भूंयकांप जाल्यार खंयची - खंयची जतनाय घेवची?

१. जर तुमी घरा भितर आसा जाल्यार

- जमनीर बागोवचें. खंयच्याय घटमूट मेजा सकयल बसचें.
- मेज नासल्यार, तुमचें तोंड आनी तकली हातांनी धांपची.
- हारशें, जनेलां, दारां पासून पयस रावचें.जमिनीवर वाका.

२. जर तुमी घरा भायर आसा जाल्यार


इमारती, झाडां, स्ट्रीट लायट, वीज वा टेलीफोन तारींकडल्यान पयस रावचें.

३. जर चलपी गाडयेंत आसा जाल्यार

बेगीन बेगीन गाडी सुरक्षीत थांबोवची आनी गाडयेंतूच रावचे.

४. जर मातयें पोंदा शिरकून उरल्यार

- फस्काची काडी पेटोवची न्हय.
- आपलें तोंड कपड्यान धांपचें.
- खंयच्याय पायपाक वा वण्टीक थापटपाचें म्हणजे वाचोवपी तुमकां सोदून काडूंक शकतले.



भूंयकांपाच्या वेळार खंयच्याय घट्ट वस्तू पोंदा लिपपाक जाय अशें कित्याक म्हणटात?

संकश्टान संपर्काखातीर सुचोवणी

संकश्टाच्या वेळार तुमकां मदतीची गरज पडूं शकता. तुमच्या वाठारांत आशिल्लें पुलीस स्टेशन, उजो पालोवपी दळ आनी लागींच्या हॉस्पिटलाचो नामो आनी फोन नंबर सोदून काडात. ही म्हायती बरयात. ही म्हायती याद दवरात.

	नामो	फोन नंबर
उजो पालोवपी दळ		
सगळ्यांत लागीचें हॉस्पीटल		
ॲम्ब्युलन्स		
पुलीस स्टेशन		

म्हजें शब्द

शिक्षकाक-सुचोवण्यो - संकश्टां कसली – कसली विशयान आस्पावपी उलोवप करात. भाग घेवप्यांक ह्या विशया संबंदीत 3 - 4 उतरां बरोवपाक सांगात. हे शब्द स्वताचे भाशेतूय आसूं येतात, जशे की भूंयकांप म्हळयार भूंकंप आदी. सहभागी लोकांकडेन तांच्यानी सोशिल्ल्या संकश्टां विशीं चर्चा करात आनी तांच्या अणभवांचेर पोस्टर/ चित्रां तयार करात.


मदतीचें काम

- जर एका तंबूंत वट्ट 6 जाण रावूंक शकतात जाल्यार 30 जाणांक कितले तंबू लावचे पडटले?

- अपघातांत 50 लोक जखमी जाल्यात. एका ॲम्ब्युलन्सांत 5 जाण जावंक शकतात, जाल्यार जखमीं खातीर कितल्या ॲम्ब्युलन्सांची गरज पडटली?

धारकता मेजप


लोकांक अन्न, उदकाच्यो बाटल्यो आनी दुदाची पॅकेटा वांटली. उदकाच्यो बाटली वेगवेगळ्या आकाराच्यो आशिल्ल्यो - कांय ल्हान, कांय व्हड, कांय तांचे परस व्हडल्यो. सगळ्या बाटल्यांचेर, तातूंत उदकाचें कितलें प्रमाण आसा ते बरयल्लें.



- १ लिटर बाटली भरपाक ५०० मि. लीटराच्यो कितल्यो बाटल्यो जाय पडटल्यो?
- २ लिटराची बाटली भरपाक २५० मि. लिटराच्यो कितल्यो बाटल्यो जाय पडटल्यो?

शिक्षक-सुचोवण्यो - वेगवेगळ्या आकाराची आयदनांच्या आनी बाटल्यांच्या प्रमाणा मदलो संबंद सोदून काडपाक भाग घेवप्यांक प्रेरणा दियात. ल्हान क्षमता आनी व्हड क्षमता आशिल्लीं आयदनां खंय पळयल्या हाची चर्चा करात. जंय मिलीलीटर (मिली) आनी लिटर (लीटर) हे मात्रा/ योग्यताय मेजपाचे प्रमाण आसतात. त्या आयदनांत कितलो द्रव दवरूं येता तें आयदनाची क्षमता सांगता. ल्हान आयदनांची क्षमता मिलीलीटरांत आनी व्हड आयदनांची क्षमता लिटरांत मेजतात. लिटरांत 1000 मिलीमीटर आसता. असतात.

- दोतोरान शिबिरांतल्या दुयेंत मनशाक 180 मि.ली. वखदाची शींसली दिली आनी दर दिसा 20 मि.ली. वखद पिवपाचो सल्लो दिलो. दुयेंतीक कितल्या दीसाचे वखद दिल्लें?



हुंवाराच्या वेळार एका गांवांत रोग पातळचो न्हय म्हणून लसीकरणा खातीर पंगड धाडिल्लो. पंगड वखदाचें १०० मि.ली चे १० शिंसल्यो घेवन गेले. लसीकरणाक दर एका मनशाक ५ मि.ली. वखद लागता. १ लिटर वखदाची लसीकरण कितल्या लोकांक दिवंक मेळटा?



संवादाखातीर -

१. वेळाविशीं कितें तरी सांग – सुखाचो काळ वा दुख्खाचो काळ.
२. कोरोना वेळार तुमी कोणाक मदत केल्ली?
३. कोरोना वेळार आयिल्ल्या संकश्टांतल्यान तुमी कितें शिकलें?
४. मास्क घालप कित्याक गरजेचें? चर्चा करची
५. हॅंड सॅनिटायझर वापरपाचें म्हत्व कितें? चर्चा करची.



९ वेळा काळाचे उलोवप

आमी शिकतले

- दोन अंकांच्या आंकड्यांचो गुणाकार
- वेळ मेजप (तास, मिनट, सेकंद)
- वेळाचें म्हत्व
- वेळाच्या मेजमापाचो वापर करप (12 आनी 24 वरांची घडयाळ) अंकी

सकयल दिल्ली उतरां वाचात दिलेले शब्द वाचा.

वेळ	दीस	काळ	पिळगी
कालखंड	घडयाळ	सप्तक	वर्स
म्हयनो	दीस	रात	कॅलेंडर
सकाळ	सांज	दनपार	वेळ

शिक्षकाक सुचोवण्यो - वेळा संबंदीत उतरां विशीं उलोवप करात. तांकां संबंदीत कांय म्हणी वा वाक्प्रचार सोदपाचो यत्न करात.

एकठांय वाचात आनी संवाद करात

हांजी नाजी

हाजी आनी नाजी दोगूय बेकार आशिल्ले तेन्नाची ही गजाल. दोगूय सकाळ ते सांज मेरेन नोकरी सोदपाक भोंवताले. फकत दोन वेळाची चपाती मेळ्ळ्यार ते कितेंय करपाक तयार आशिल्ले अशी परिस्थिती आयिल्ली. त्या दिसांनी शारांत एक सर्कस आयली. सर्कसवाल्यांनी थळाव्या दिसाळ्यांत कांय दिसां खातीर कांय दादले जाय अशी जायरात दिल्ली. इत्सूकांनी सकाळीं 10 वरांचेर हॉटेल साडेदहा वाजता नाजी पोचला. मानसरोवराक संपर्क करचो. साडे धा वरांचेर नाजी पावलो सर्कसवाल्यान म्हणलें, "पळय भावा, गजाल अशी आसा आमचो माकड दुर्येंत पडला.



ताचे बदला माकडाची कात घालून थोडो वेळ माकड जावचो पडटलो. दिसाक साठ रुपया मेळटले.

नाजीन विचारलें, "म्हाका माकडा भशेन उडयो मारच्यो पडटल्यो?"

सर्कसवाल्यांनी म्हणलें, "हय, पूण शिंवाच्या पांजऱ्यांत भितर वचून. भीव नाका. शींव तुका कांयच करचो ना..

नाजीक खूब भंय दिसलो, पूण कामाची सामकी गरज आशिल्ली म्हूण तो तयार जालो.

दुसऱ्या दिसा माकडाची कात घालून नाजी उडयो मारीत पावलो. ताका पळोवन प्रेक्षक खूब खोशी जाले आनी ताळयो मारपाक लागले. पूण शींवाच्या पांजऱ्यांत भितर वचपाची पाळी आयली तेन्ना नाजीचे हात-पांय जड जाले. ताच्यान मुखार पावल घालपाक जाले ना. व्हड कश्टान तीन मनशांनी मेळून ताका शींवाच्या पांजऱ्यांत धुकल्लो.

मुखार शींव पळोवन नाजीचीं दातखिळीं घट जाली. तो कोनशाक चिकटून थरथरून कांपपाक लागलो. मुतूंक जाले. ल्हवू ल्हवू चलून, शींव तांचे मुखार आयलो. ताणें आपलें तोंड नाजीच्या तोंडाक दाबून म्हणलें, "भीवं नाका. हांव हाजी" तूं साडे धा वरांचेर पावल्लो, हांव पावणें धा वरांचेर पाविल्लो. त्या वेळार शिवाचो जागो रितो आशिल्लो.

- स्वयं प्रकाश

(स्रोत – सायकल, भुरग्यांची दुचाकी)

एकठांय वाचात आनी संवाद करात

प्रस्न 1. आतां सर्कसीक पयलीं सारको ट्रेंड ना. हाका कितें कारण आसूं येता?


प्रस्न 2. अशें कसलें – कसलें खेळ तमाशे आसात जे कांय काळापयलीं खूब लोकप्रीय आशिल्ले, पूण आतां तशे ना. अशें कित्याक?

प्रस्न 3. बेकारीक लागून हाजी आनी नाजी हांकां सर्कसींत काम करचें पडलें. आयच्या काळांत बेकारी वाडल्यात काय कमी आसात? कशें?

प्रस्न 4. आयच्या काळांत लेगीत कांय लोकांक बायलांनी घरा भायर काम केल्ले आवडना. हाचे विशीं तुमचें मत कितें आसा आनी कित्याक?

प्रस्न 5. जायते फावटीं लोकांक आपलें जिवीत असल्या कामांनी घालोवचे पडटा, जे तांकां करपाचे नासता. अशें कित्याक जाता आनी हाचेर कितें उपाय आसूं येता?


म्हजें आवडीचें काम



योग्य वेळार

एका नेमान दर सकाळीं
सुर्या उदेता,
एका नेमान बदलपी
चंद्र हांसता.

एका नेमान नखेत्रां मंद
पडून परत फुलतात
एक नेमान न्हंयो आनी व्हाळ
दर्यांत मेळटात.



एका नेमान तुमीय तुमची
सगळीं कामां हाताळचीं
न्हिदून उठात, न्हायात - धुयात
बसात, जेवात.

योग्य वेळार शिकपाक चलात
योग्य वेळार खेळात,
म्हणजे सगळें करपाक मेळटा
जे जाय तें घेवचें

-निरंकारदेव सेवक

प्रस्न 1. वेळ ह्या उतराचो उपेग करून वाक्य तयार केला. सकयल दिल्ल्या उतरांचो उपेग करून वाक्यां तयार करून बरोवचीं-

वेळ	जो वेळाक म्हत्व दिना, वेळ ताका म्हत्व दिना
तेंप	
काळ	
कालखंड	
दीस	

प्रस्न 2. ह्या गीतांत वेळार काम करपाचेर भर दिल्या.

एका नेमान तुमीय तुमची
सगळीं कामां हाताळचीं
न्हिदून उठात, न्हायात - धुयात
बसात, जेवात.

तुमी खंयचीं कामां वेळार करतात आनी खंयचीं करिनात? कारणूय सांगात.

_____

_____

_____

प्रस्न 3. खंयचेय एक काम जे तुमी दिल्ल्या वेळार करतलें वा करपाक आवडटले-

आयज	
फाल्यां	
ह्या सप्तकांत	
ह्या म्हयन्यांत	
ह्या वर्सा	

म्हजें शब्द / म्हजीं उतरां

आमच्या उलोवपांत वेळ केन्ना, खंय आनी कसो येता, वाचात-

वेळ बदलप

आतां पश्चाताप जावन कितें फायदो शेत सुकण्यान खाल्लें

वेळ वायट चल्ला


वेळा - काळीची खबर

गेल्लो वेळ परत येना

फाल्यां करपाचें ते आयजूच करात


अशें तरेची आनीक कांय वाक्यां सांगात जातूंत वेळाचो उल्लेख आसतलो

येयात आमी हातांची बोटां मेजुयां



दोन हातांच्या बोटांची वट्ट संख्या २ × ५ = १०

१२ हातांची कितली बोटां?




१२ फावटी ५ म्हणजेच

१२ × ५ वा १२


× ५

येयात, घडयाळी वयल्यान वेळ पळोवपाक शिकुया

- घडयाळाच्या डायलाचेर चड करून १२ क्रमांक आसतात. दर दोन आंकड्यांमदीं ४ ल्हान ल्हान लायन्स आसतात.



- पुराय डायलाचेर वट्ट कितल्यो ओळी आसात? मेजून बरयात.
- घडयाळाच्या डायलाचेर दोन वा तीन प्रकारचे कांटे घुंवतात.



तीन कांट्यांची घडयाळ



दोन कांट्यांची घडयाळ

- सगळ्यांत दाट आनी ल्हान कांटो म्हणल्यार वरांचो कांटो. तो वरां सांगता. वरांचो कांटो एका आंकड्याकडल्यान दुसऱ्या आंकड्याकडे एका वरांत पावता. तो १२ वरांत पुराय डायलाक फेरो काडटा. २४ वरांत वा एका दिसांत पुराय डायलाक कितले फेरे काडटा?
- ताचेपरस मिनटांचो कांटो पातळ आनी लांब आसता. तो मिनटां सांगता. मिनटांचो कांटो एका आंकड्याकडल्यान दुसऱ्या आंकड्याकडे पांच मिनटांनी पावता. तो 60 मिनटांनी पुराय डायलाक फेरो मारता.
- सगळ्यांत पातळ आनी लांब कांटो सेंकदाचो. तो सगळ्यांत वेगान धांवता. तो सेकंद सांगता.



घडयाळांत २ वरां जाल्यात.



घडयाळांत ५ वरां जाल्यात.

६० मिनटां सोंपतकच एक वर जाता. 3 वरांत कितली मिनटां आसतली?

३ × ६० वा ६०

×३

घडयाळांत कितलो वेळ जालां.....

जेन्ना मिनिटाचो कांटो 12 चेर आसतलो तेन्ना वरांचो कांटो ज्या खंयच्या आंकड्यांचेर आसतलो, तितलीच वरां जाल्ली आसतली. देखीक, जर वरांचो कांटो 3 चेर आनी मिनटांचो कांटो 12 चेर आसल्यार तीन वरां जातली.





बारा जाली



जाली



जाली



जाली



जाली



जाली



जाली



जाली

शिक्षकाक - सुचोवण्यो - भाग घेवप्यांक घडयाळाक पळोवन वेळ सांगपाक प्रेरीत करात. वेळाचे मापन आनी वरां, मिनटां आनी सेकंदां मदलो संबंद समजून घेवप.

डिजिटल घड्याळ

- डिजिटल घड्याळात वेळ थेट दाखवली जाते. रेल्वे स्थानकांवर, मोबाईल फोन इत्यादी जागांवर डिजिटल घड्याळे असतात.
- खाली दिलेल्या घड्याळांत किती वेळ झाला? सांगा.





06:40

जाल्यात

07:45

___ जाल्यात

12:45

___ जाल्यात

06:20

___ जाल्यात

येयात, आतां करून पळोवया (पयलीं अदमास लायात आनी मागीर घडयाळ वापरून सोदून काडात)-

- तुमकां जेवण जेवपाक कितलो वेळ लागता? _____ मिनटां
- तुमकां न्हावपाक कितलो वेळ लागता? _____ मिनटां
- रातच्या वेळार, हांव _____ वरांचेर न्हिदता आनी सकाळी _____ वरांचेर उठ्ठा. हांव _____ वरां न्हिदता.
- गांवांतली शाळा _____ वरांचेर सुरू जाता आनी _____ वरांचेर बंद जाता. शाळेक _____ वरां लागता.

शिक्षकाक सुचोवण्यो: भाग घेवप्यांक कांटो आशिल्ली वा डिजिटल घडयाळाचेर वेळ पळोवपाक आनी सांगपाक प्रोत्सहीत करचें.

शेतकाराची सकाळ

सकाळीं ६:०० वरां  सावन शेतकार तण कापपाक लागता आनी ताचीं ल्हान ल्हान पेंडका तयार करता. ५ ल्हान पेंडका तयार जातकच त्या पांचांकूय बांदून तो व्हडले पेंडूक करतालो.  ७ वरां मेरेन तण कापतकच, तो १५ मिनटां उपरांत घरा पावतालो. सकाळीं ६ ते ७ मेरेन ताणें तणाची 4 व्हडली पेंडकां तयार केल्ली.

- ताणें तण कापून कितली ल्हान पेंडका तयार केल्यात ?

  हाका बी बरोवंक शकतात.

  तो परतो घरा कित्ल्या वरांचेर पाविल्लो? हो वेळ घडयाळीचेर  दाखयला. सकाळीं वरांचेर

- शेतकारान तण कापपाक कित्ल्या वरांचेर सुरवात केल्ली? सकाळी वरांचेर
- शेतकारान तण कितली वरां जायसर कापलें ? सकाळीं वरामेरेन
- शेतकाराक तण कापपाक कितलो वेळ लागलो? वरां = मिनटां
- शेतकाराक तण कापपाक आनी परत घरा पावपाक लागिल्लो वट्ट वेळ -

  १ वर + १५ मिनटां = मिनटां

शिक्षकाक – सुचोवणी - दर दिसा जिणेंतल्या कामांनी लागपी वेळ कांय देखी घेवन चर्चा करात.

म्हजें शब्द


नई दिल्ली NEW DELHI
प्रस्थान समय
गाड़ी का नाम
मालवा एक्सप्रेस
उद्यान आभा तूफान एक्सप्रेस
पंजाब मेल
भोपाल शताब्दी एक्सप्रेस
अजमेर शताब्दी एक्सप्रेस
लखनऊ शताब्दी
नीलांचल
देहरादून शता
गोरखधाम
उद्यान आभा
आम्रपाली
दिल्ली
नई दिल्ली
NEW DELHI

संवादाखातीर/ उलोवपाखातीर

१. हें चित्र खंयच्या स्टेशनाचें ?
२. प्लॅटफॉर्माचेर खंयची रेल्वेगाडी उबी आसा ?
३. तुमच्या घरांकडल्यान सगळ्यांत लागींचें रेल्वे स्टेशन खंयचें ?
४. तुमच्या गांवा/शारां सावन ग्वालियर कशें पावूंक शकता ?



१० प्रवास

आमी शिकतले

१. वेळाच्या मापाचो उपेग करप (12 आनी 24 वरांची घडयाळ)

२. कॅलेंडर, वेळापत्रक आनी रेल्वे तिकेटीचेर दिल्ली म्हायती समजून घेवप

सकयल दिल्लीं उतरां वाचात.


सीट	देखावें	ड्रायव्हर	शिळोणी	कुरू
परतुवप	रेल्वे	मार्ग	शौचालय	प्रवास
वाट	बैलगाडी	भाडें	सामान	सायकल
तिकीट	प्रवासी	भोंवडेकार	बसीचो निमाणो स्टॉप	रेल्वे स्टेशन
बुकिंग	रिक्षा	स्लीपर	गार्ड	इंजीन
टी.टी	प्लॅटफार्म	कंडक्टर	आरक्षण	तत्काळ


शिक्षक - सुचोवणी: वयर प्रवासा संबंदीत कांय उतरां दिल्यांत. ह्या उतरांचेर भासाभास करात. भाग घेवप्यांक खंयच्याय प्रवासात मजेशीर मेळिल्लो असो एक अणभव सांगपाक सांगात. भाग घेवप्यांक प्रवासा संबंदीत एक नाटक तयार करपाक सांगचे तशेंच हेर लोकांक दाखोवपाक प्रोत्साहीत करचें.

गांधीजीच्या आत्मचरित्रांतल्यान....

गांधीजी "गिरमीटाची प्रथा" ह्या अध्यायात बरयतात-

म्हाका रेल्वेत गर्देच्या त्रासाचो खूब वायट अणभव आयला. म्हाका लाहोर वतना कराची सावन कलकत्ता वचपाचें आसलें. लाहोरांत ट्रेन बदलपाची आसली. थंयच्या रेल्वेची वायट स्थिती आशिल्ली. प्रवासी जबरदस्तीन भितर सरताले. दार बंद आसल्यार ते जनेलातल्यान भितर सरताले. म्हाका थारायिल्ले तारखेक कलकत्ता पावपाचें आसलें. ही रेल्वे चुकयली जाल्यार कलकत्ता पावचो नासलो. हांवे बसपाक सुवात मेळटलीं ही आस्तूच सोडून दिल्ली. कोणूच म्हाका डब्यांत भितर सरपाक दिनासलो. निमाणें एका कामगारान म्हणलें, "म्हाका बाराणें दिल्यार, तुका सुवात मेळोवन दितलों." हांवें म्हणलें, "तुमी म्हाका सुवात दिल्यार हांव तुमकां बाराणें नक्कीच दितलों." कामगार प्रवाशांक विनवणी करतालो, पूण म्हाका व्हरपाक कोणूच तयार नाशिल्लो. रेल्वे वचपाची





आशिल्ली तेन्ना एका डब्यांतल्या कांय प्रवाशांनी म्हणलें, "डब्यांत सुवात ना. तरी भितर सरूंक मेळटा जाल्यार यत्न करात. पूण उबे रावचें पडटलें." कामगारान म्हजें कडेन पळयलें आनी म्हणलें, "कितें म्हणटा?" हांवें "हय" म्हणलें आनी ताणें म्हाका उखलून जनेलांतल्यान भितर घालो, हांव भितर सरलो आनी त्या कामगारान बाराणें जोडले.

ही रात हांवें त्रासांत काडली. हेर प्रवासी कशे बशे बसले. हांव वयल्या सिटाची सांखळी घट्ट धरून दोन वरां उबो रावलो. मजगतीं कांय प्रवासी म्हाका धमकायत रावले, "अरे, तूं कित्याक बसना? " खंयच जागो ना अशें हांवें खूब समजायले. पूण तांकां म्हजें उबें रावप लेगीत सोंसूंक जायनाशिल्लें. म्हाका परत परत त्रास करताले. जितले ते म्हाका त्रास करतालें तितलोच शांतपणान हांव तांकां जाप दितालो. हाका लागून ते मात्शें शांत जालें. म्हजें नांव आनी सुवात विचारली. जेन्ना हांवें म्हजें नांव तांकां सांगले तेन्ना तांकां लज जाली. माफी मागून आपल्या कुशीक सुवात तयार केली, 'पासियेंसाचे फळ सदांच गोड आसता' ही म्हण याद जाली. हांव खूब थकिल्लो. म्हजी तकली घुंवताली. म्हाका जेन्ना खऱ्यांनीच गरज पडिल्ली तेन्ना देवान बसपाची सुवात दिल्ली.

वाचात आनी संवाद करात

प्रस्न १. गांधीजी रेल्वेंतल्यान प्रवास करपाक स्टेशनाचेर पावले. तांच्यानी स्टेशनाचेर येवपाक कसो प्रवास केलो आसतलो?

प्रस्न २. गांधीजी रेल्वेंतल्यान प्रवास करपाक स्टेशनाचेर पावले. तांच्यानी स्टेशनाचेर येवपाक कसो प्रवास केलो आसतलो?

प्रस्न ३. खंयच्याय प्रवासांत दादले चड दिसतात. बायलो उण्यो दिसतात. अशें कित्याक?

प्रस्न ४. जशी गांधीजीक आपल्या प्रवासाची याद उरल्या, तशी तुमकां तुमच्या खंयच्या प्रवासाची याद आसा ? ताचे विशीं सांगात.

प्रस्न ५. आयज लेगीत जायत्या गांवांनी येवपा – वचपाखातीर योग्य सुविधा ना. अशे परिस्थितींत लोकांक कसलें - कसलें त्रास सोंसचे पडल्यात ? तुमच्या वाठारांतल्या अणभवाच्या आदाराचेर सांगात.

गांधीजीन हो प्रवास लाहोरसावन कलकत्ता मेरेन १९१७ वर्सा केल्लो. भारतीय राश्ट्रीय कॉंग्रेसीच्या आमंत्रणान तांकां कलकत्ता पावपाक जाय आसलें. ते मेरेन ताका महात्माची पदवी मेळूंक नाशिल्ली, पूण जंय जंय तांची वळख जाल्ली थंय ताचें नांव निश्चीतपणान जाहीर जातालें.

प्रवास

हांव म्हज्या भयणीच्या घरा आयिल्लो. हांगा दोन – तीन दीस रावतलो, मागीर परत म्हज्या घरा वतलो. भयणूय केन्ना केन्ना येता. पूण ताचें येवप म्हणल्यार घरा परत न्हय! आमी दोगांयनी आमचो प्रवास एकाच घरांतल्यान सुरू केल्लो. म्हजी भयण म्हजे परस तीन वर्सां व्हड आशिल्ली. ती म्हजें खूब लाड करताली. ती जें कितें खाताली, तातूंत म्हजो भाग आसतालो. तशेंच केन्ना केन्ना हांवूय म्हज्यो वस्तू ताका दितालो. ताका म्हजे कपडे ल्हान जातालें. पूण ताचे कपडे म्हाका सारके जाताले. खरें सांगचे जाल्यार मात्शे सयल जातालें. एक फावट हांवें तिचो फ्रॉक घाल्लो. ती इतली हांसली, इतली हांसली, पोट धरून हांसत रावली. म्हाका समजलें ना पूण ती हांसताली म्हणून हांवूय हांसतालो.



आज सकाळींच हांव ताच्या घरा आयलां. सकाळीं सावन ती प्रत्येक गजालीचेर हांसताली. तिचीं भुरगीं, तिचो घोव, सगळ्यांचें काम तिचे बगर जायना. हांव ताका एकटोच मेळपाक सोदता. पूण भुरगीं ताच्या सदांच भोंवतणीं आसतात. ताणें आंगणांत एक पेर लायिल्ली. पयलेच फावट तिका फळ लागला. हे पयले फळ हांवें ताचे खातीर काडिल्लें. तेंच हांव ति का दिवपाचो आसा. भुरग्यां मुखार दितलों काय कांयच खबर ना... ते घडये हांसतले. वा कोणाक खबर, ते स्वता खावचें सोडून भुरग्यांकूय दिवंक शकता. वा कोणाक खबर , भुरगीं ते ताचेकडल्यान काडून घेवंक शकतात.

आयज परतो घरा वता. रातची बस आसा. बसींत सगळे न्हिदल्यांत. ड्रायव्हर जागो आसा. पूण तो तर ड्रायव्हर. आनी हांव जागो आसा. वाटेर दुकानां आसात. थंडेची रात. एका दुकानाचेर उजो पेट्टील्लो दिसता. न्हिदिल्ले दोन सुणे सोडल्यार आनीक कोणूच दिसनाशिल्लो. केन्ना अदी मदी थोडो उजवाड दिसता. पयस शेतांत खंय तरी एक बल्ब हुमकळटा तो दिसता. हेर सगळें कडेन काळोख आसा. बसीच्या हेडलायटांच्या उजवाडांत थोडोसो रस्तो दिसता.

ही कसली भोंवडी! सगळेच न्हिदिल्यांत. ते खंय वतात तें कोणाकूच खबर ना! ड्रायव्हराचेर खूब विस्वास. बसीच्या भायरूय सगळे न्हिदिल्लें आसात. हांव सकाळीं घरा पावतलों.

आवय आंगणांत बसल्या. म्हजी वाट पळयत ! भयणीन आवय खातीर आडकाडी दिल्या. हांवें तीं पोतयेच्या वयल्या खिशांत दवरिल्लीं. हांवें रोखडींच आवयच्या हातांत दिलीं. आवय खूब खोशी आसा. खूब खोशी ! हांवें पोतयेंतल्यान ते पेर काडले आनी जंयच्यान काडिल्लें तो जागो सोदपाक लागलो.

- सुशील शुक्ल

सांगात

प्रस्न १. लेखक आपल्या भयणीक पेर कित्याक दिवंक पावलो ना ?

प्रस्न २. 'यात्रा' वाचतना तुमकां कशें दिसलें ? ताचो खंयचोय भाग वाचता आसतना तुमकां अशें दिसला की आपणेंय हेंय अणभवला ?

प्रस्न ३. लेखकान प्रवास करतना बसी भायर कितें कितें पळयलें ?

प्रस्न ४. खुबशें फावट ल्हान चले लेगीत भयणीचो फ्रॉक घालतात. हाचेर तुमी कितें सांगतलें?

प्रस्न ५. भाव-भयणीचो खूब मोग आसा अशें हें काणयेंत खंयच्या भागांत सांगला?

प्रस्न ६. तुमी भोंवडी खंयच्या कारणांक लागून केल्या?

वाचात आनी बरयात

प्रस्न १. योग्य वाक्प्रचारांनी वाक्यां पुराय करात -

पांय वयर करून न्हिदप, हांसून हांसून पोटांत दुखप, काळजांत धडधडप, दिश्टीच पडप ना, दोळो लागप

(क) म्हाका फ्रॉक घाल्लों पळोवन

(ख) बऱ्याच दिसा उपरांत दिसलो, तूं तर

(ग) काळखांत तर म्हजे

(घ) म्हजी वाट पळयता पळयता आवयचो

(ङ) रातचें सगळें

प्रस्न २. योग्य उतर बरयात

१. तुका ------ वचपाचें आसा? (खंय/खय)
२. भयणीची ------ आयल्या (मांय/माय)
३. काल खूब वेगान -------- आयले. (वादळ/ वादळें)
४. भयणीन ------ की पावस येतलो. (सांगले/ सागले) .
५. मुखार सुणो पळोवन ----- अडकलो (स्वास /सास)
६. भुरग्यांची ----- तिकेट लागता. (अर्दी/अर्द)

प्रस्न ३. तुमच्या गांवांत / शारांत प्रवासाचीं खंयची खंयचीं साधनां आसात ? सकयल दिल्ल्या येरादारी साधनां मदलें तुमी खंयचें साधन वापरतात ? (√) कुरू करात

१. बस
२. ट्रेन
३. मेट्रो
४. जीप
५. स्कूटर
६. ई-रिक्षा
७. टॅक्सी
८. ट्रक/बस

प्रस्न ४. तुमच्या यादींतल्या प्रवासाच्यो कांय गजाली हांगा बरयात –

प्रस्न ५. खंयच्याय प्रवासाक कसली तयारेची गरज आसता? तुमचे विचार सांगात आनी बरयात -

२४ वरांची घड्याळ

एका दिसांत २४ वरां आसतात. आमी चड करून १२ वरांच्या घडयाळींत वेळ पळयतात. तिचो वरांचो कांटो एका दिसांत पुराय घडयाळीक दोन फेरे मारता. एक फेरयेक १२ वरां लागतात, मागीर दुसरी फेरी सुरू जाता. ह्या घडयाळींत दनपारां पयलीं (सकाळीं AM) आनी दनपारां उपरांत (सांजवेळार PM) वेळ बरोवचो पडटा. जाल्यार २४ वरांची घडयाळ मध्यान रातीं १२ वरांचेर पुराय २४ वरांचो वेळ दाखयता, देखीक सांजे ५ वरांचेर २४ वरांची घडयाळांत १७:00 अशें दाखयतले, आनी हाचो उपेग रेल्वे स्टेशन, विमानतळ आदी सुवातींनी वापरतात.

■ वेळापत्रक

पीयूष महाबोधी एक्सप्रेसांत बसून नवी दिल्ली सावन प्रयागराज जंक्शना मेरेन प्रवास करतलो. हे रेल्वेचे वेळापत्रक २४ वरांच्या घडयाळा प्रमाण दिल्लें आसा.

१२३९८ महाबोधी एक्सप्रेस वेळापत्रक

क्र.सं.	स्टेशनाचें नांव	पावपाचो वेळ	स्टेशनावेल्यान वचपाचो वेळ	अंतर (किलोमीटरांत)
१.	नवी दिल्ली	————	१२:१०	————
२.	अलीगढ़ जकशन	१३:५१	१३:५३	१३१
३.	कानपर सेंट्रल	१७:३०	१७:४०	४४०
४.	प्रयागराज जकशन	२०:१०	२०:१५	६३५

आतां महाबोधी एक्सप्रेसाचे वेळापत्रक पळोवन सांगात -

१. पीयूष प्रयागराज जंक्शनार केन्ना पावतलो ? तेन्ना १२ वरांच्या घडयाळीर कितलो वेळ जाल्लो आसतलो ?

२. नवी दिल्ली सावन प्रयागराज जंक्शनार पावपाक कितलो वेळ लागतलो ?


३. नवी दिल्ली ते प्रयागराज जंक्शन हांचेमदीं अंतर कितलें किलोमिटर आसा ?

४. अलीगढ जंक्शनासावन प्रयागराज जंक्शन कितले पयस आसा ?

शिक्षकाक सुचोवणी- भांग घेवप्यांक २४ वरांची घडयाळीतलो आनी १२ वरांचें घडयाळीतलो वेळ सांगपाक प्रेरीत करचें तशेंच हेर रेल्वे वेळापत्रक वापरून २४ वरांची घडयाळांत दिल्लो वेळ १२ वरांच्या घडयाळाच्या वेळार बदलूक संद दिवची.

रेल्वे तिकेट

येयात, पीयूषाच्या रेल्वे तिकेटीचो नुमनो पळोवया.



१. पीयूषाच्या गाडयेचें नांव कितें ?
२. गाडयेचो क्रमांक कितें ?
३. कोच नंबर कितें ?
४. सीट नंबर कितें?
५. पीयूषाची पिराय कितली आसा ?
६. नवी दिल्ली ते प्रयागराज जंक्शन मेरेन कितली तिकेट ?
७. कितले रुपया परत मेळटलें ?




दिवन तिकेट विकती घेवपाचेर



दिवन तिकेट विकती घेवपाचेर

▪ रेल्वे तिकेटींत दिल्ली म्हायती वाचून सांगात आनी बरयात -



शुभ यात्रा HAPPY JOURNEY

पी एन आर नं. PNR NO.	गाड़ी नं. TRAIN NO.	तिथि DATE	कि.मी. K.M	वयस्क ADULT	बच्चे CHILD	टिकट नं. TICKET NO.
423-4888961	12429	30-01-2012	705	1	0	A 10698864 /10698864

श्रेणी CLASS — JOURNEY CUM RESERVATION TICKET — से आरक्षित PRS-SC

3वाता चेंगलुरु सिटी जं. सिकंदराबाद जं.

BANGALORE CY JN SECUNDERABAD JN तक आरक्षित / RESV. UP TO 313

कोच COACH	सीट/बर्थ SEAT/BERTH	लिंग SEX	आयु AGE	यात्रा प्राधिकार T.AUTHORITY	रियायत CONC	आ.शु. R.FEE	शु. प्र. S.CH.	सु. प्र. SF.CH	वाउचर रु. VOUCH. Rs.	कु. नकद रु. T.CASH Rs.
B4	1	LB	F	25	NV	20				1085

Rs.ONE ZERO EIGHT FIVE ONLY

RAJDHANI EXP BRD BANGALORE CY JN SCH DEP 30-01 20:20 ARR 31-01 07:35
313 04-11-2011 16:55 JET 1 VIA DMM

- प्रवासाचें अंतर कितलें आसा ?
- प्रवासाची तारीख कितली ?
- तिकेट घेवन खंयच्यान खंय वचूं येता ?
- भोंवडेचें भाडें कितलें ?
- चार प्रवासी आसल्यार भाडें कितलें जातलें ?
- तिकेटीचो पी.एन. आर.नंबर कितलो आसा ?

कॅलेंन्डर

एका वर्साक १२ म्हयने आसतात. कांय म्हयने ३० दिसांचे, कांय ३१ दिसांचे आसतात. फेब्रुवारी म्हयन्यांत २८ वा २९ दीस आसतात. वर्साचो पयलो म्हयनो जानेवारी आनी निमाणो म्हयनो डिसेंबर.

2022

जनवरी

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
						1
2	3	4	5	6	7	8
9	10	11	12	13	14	15
16	17	18	19	20	21	22
23	24	25	26	27	28	29
30	31					

फरवरी

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
		1	2	3	4	5
6	7	8	9	10	11	12
13	14	15	16	17	18	19
20	21	22	23	24	25	26
27	28					

मार्च

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
		1	2	3	4	5
6	7	8	9	10	11	12
13	14	15	16	17	18	19
20	21	22	23	24	25	26
27	28	29	30	31		

अप्रैल

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
					1	2
3	4	5	6	7	8	9
10	11	12	13	14	15	16
17	18	19	20	21	22	23
24	25	26	27	28	29	30

मई

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
1	2	3	4	5	6	7
8	9	10	11	12	13	14
15	16	17	18	19	20	21
22	23	24	25	26	27	28
29	30	31				

जून

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
			1	2	3	4
5	6	7	8	9	10	11
12	13	14	15	16	17	18
19	20	21	22	23	24	25
26	27	28	29	30		

जूलाई

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
					1	2
3	4	5	6	7	8	9
10	11	12	13	14	15	16
17	18	19	20	21	22	23
24	25	26	27	28	29	30
31						

अगस्त

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
	1	2	3	4	5	6
7	8	9	10	11	12	13
14	15	16	17	18	19	20
21	22	23	24	25	26	27
28	29	30	31			

दिसंबर

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
				1	2	3
4	5	6	7	8	9	10
11	12	13	14	15	16	17
18	19	20	21	22	23	24
25	26	27	28	29	30	31

अक्तूबर

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
						1
2	3	4	5	6	7	8
9	10	11	12	13	14	15
16	17	18	19	20	21	22
23	24	25	26	27	28	29
30	31					

नवंबर

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
		1	2	3	4	5
6	7	8	9	10	11	12
13	14	15	16	17	18	19
20	21	22	23	24	25	26
27	28	29	30			

दिसंबर

रवि	सोम	मंगल	बुध	गुरु	शुक्र	शनि
				1	2	3
4	5	6	7	8	9	10
11	12	13	14	15	16	17
18	19	20	21	22	23	24
25	26	27	28	29	30	31

जे वर्स पुरायपणान ४ च्या भागान जाता, त्या वर्सा फेब्रुवारी म्हयन्याक २९ दीस आसतात. जशें २०१६ आनी २०२० फेब्रुवारींत २९ दीस आशिल्ले. २०२४ आनी २०२८ वर्साय फेब्रुवारी म्हयन्याक २९ दीस आसतले.

वर्साक ३६५ दीस आसतात. ज्या वर्सा फेब्रुवारी म्हयनो २९ आसता, त्या वर्सा ३६६ दीस आसतात.

सप्तकांत ७ दीस आसतात हें आमकां सगळ्यांक खबर आसा. कॅलेंन्डरांत सप्तकाचो पयलो दीस आयतार आनी निमाणो दीस शेनवार आसता. वर्साच्या दर एका म्हयन्याचो हिशोब कॅलेंडरांत आसता. जशें म्हयन्यांत कितले सप्तक आसतलें, खंयच्या दीसा खंयची तारीक आसतली आदी.

येयात, दिल्लो कॅलेंन्डर पळोवया आनी समजून घेवया -

सकयल २०२२ वर्साचो, ऑगस्ट म्हयन्याचो कॅलेंडर दिल्लो आसा. तो पुराय करात -

रविवार	सोमवार	मंगळवार	बुधवार	गुरुवार	शुक्रवार	शनिवार
	१	२	३			६
७						
			१७			२०
२१				२५		
			३१			

कलेन्डराक पळोवन सांगातपाहून सांगा –

- ह्या म्हयन्यांत कितले आयतार आसतले ?
- १७ ऑगस्टाक खंयचो दीस आसतलो ?
- म्हयन्याच्या चवथ्या शेनवारा खंयची तारीख आसतली ?
- १९ तारीक सोमार आसतलो काय ?
- पीयूषान ६ तारखेक प्रवास सुरू केलो आनी १५ तारखेक सोपयलो जाल्यार ताणें कितले दीस प्रवास केलो ? तुमकां कशें कळळें ?
- हो म्हयनो खंयच्या दिसा सोंपता?
- राणीक शुक्रारारा सुटी मेळटा. ह्या म्हयन्यांत राणीक 5 सुटयो मेळटल्यो?

शिक्षक – सुचोवण्यो - सहभागी लोकांक कॅलेंडराच्या आदारान दिल्ल्या दोन तारखां मदल्या दिसांची संख्या सोदून काडपाक प्रेरणा दिवचीं.

वर्णमाळा

अ आ इ ई उ ऊ ऋ ए ऐ ओ औ

क ख ग घ ङ

च छ ज झ ञ

ट ठ ड ढ ण

त थ द ध न

प फ ब भ म

य र ल व

श ष स ह

क्ष त्र ज्ञ श्र



STATE COUNCIL OF EDUCATIONAL RESEARCH & TRAINING (S.C.E.R.T)
Government of Goa
Alto Porvorim